## काजू प्रक्रिया उद्देग रोजगार अनुदान येवजणेत दुरूस्ती

ता. 26 सप्टेंबर 2024

उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान काजू प्रक्रिया उद्देगाची वाड करप आनी चालू दवरपाक आदार करपा खातीर काजू प्रक्रिया उद्देग रोजगार अनुदान येवजणेत दुरूस्ती केल्या. काजू प्रक्रिया उद्देगां वतीन आपल्या गोंयकार नियमीत कामगारांक दिवपात येवपी वर्सुकीं पगाराच्या 50 टक्के पगाराची परतफेड करून उद्देगाक प्रोत्साहन दिवप हो येवजणेचो उद्देश आसा.

सध्याच्या नियमीत रोजगारा बाबतीत कमीत कमी 6 म्हयन्यांच्या तजवीजीच्या बदला आता गोंयकार कामगारांक वर्साक कमीत कमी 120 दीस रोजगार दिवपी सगळें काजू प्रक्रिया उद्देग येवजणे खातीर पात्र आसात. तशेंच जे कामगांर म्हयन्याचे कमीत कमी 12 दीस कमीत कमी 8 म्हयन्या खातीर हजेरी पटार आसतले, अशां कामारांक अनुदाना खातीर पात्र धरतले.

उद्देग, वेपार आनी वाणिज्य संचालनालयान गोंयांतल्या सगळ्या काजू प्रक्रिया उद्देगांक ह्या येवजणेचो फायदो घेवपाचे आवाहन केला. कॅलेंडर वर्साचें म्हव्व्यार जानेवारी ते डिसेंबर मेरेनचे दावे येवपी वर्साच्या 31 मार्च पयली सुपुर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/512

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.